Panaji national news

4 sept 2026,6.30pm

80 इमेजिंग उपगिरो

भारताचो भूस्थिर कक्षेतलो पयलो इमेजिंग उपगिरो श्रीहरिकोटा हांगाच्या सतीश धवन अंतरिक्ष केंद्रांतल्यान जीएसएलव्ही रॉकेटा वरवी यशस्वीपणान प्रक्षेपित केलो. . इस्रोन सांगला की, ईओएस-०५ हो पृथ्वी निरीक्षण उपगिरो कृषी, आपत्ती व्यवस्थापन आनी हेर अनुप्रयोगांक आदार दिवपाक रियल-टायम प्रतिमे वरवी मजत करतले. ह्या मिशनाक लागून भारताची धर्तरेची निरिक्षण क्षमता आनीक घट जातली आनी संबंदीत सेवा दिवपाची वेवस्था सुदारतली अशें इसरोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हाणी म्हटला. . प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी इस्रोची ही एक उत्कृष्ट कामगिरी आणि देशाखातीर एक अभिमानाचो खीण अशे म्हटला.

140 जल्माष्टमी

श्रीकृष्णाच्या जल्माष्टमीचो उत्सव आयज देशभर धर्मीक उमेदीन मनयतात. भक्त उपास करतात, प्रार्थना करतात आनी देवळांक भेट दितात. देवळांत आनी घरां भगवान श्रीकृष्णाच्या जिवितांचेर आधारित प्रसंग दाखोवपी देखावे सजयल्यात. तशेंच दीसभर आनी रात मेरेन भक्तीगीतां आनी जप करतात. ह्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण श्रीकृष्णाक आवडपी गोड पदार्थ आनी हेर पारंपारीक खाणां-जेवणा तयार करून अर्पण करतात. भगवान कृष्णा कडेन संबंधित आशील्ले शहर मथुरा-वृंदावन, आयज रातच्या भव्य जन्माष्टमी उत्सवा खातीर सजला . राष्ट्रापती द्रौपदी मुर्मू, उप राष्ट्रापती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जन्माष्टमी निमतान देशवासियांक शुभेच्छा दिल्यात. उत्तर प्रदेशचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ आयज मथुरेतल्या या उत्सवात वाटेकार जातले..

90 नशामुक्त भारत

नशामुक्त भारत अभियानाच्या सव्या वर्सुकी दिसानिमतान ह्या महिन्यात अमली पदार्थांच्या गैरवापरा आड राष्ट्रीय सामूहिक प्रतिज्ञा आयोजित करतले.. ह्या उपक्रमाचो उद्देश प्रत्यक्ष आणि ऑनलाइन सहभागा वरवी १० कोटीं परस अधिक नागरिकांक संघटित करप हो आसा.

सामाजिक न्याय आणि सक्षमीकरण मंत्रालयातल्या अमली पदार्थ प्रतिबंध विभागाचे सहसचिव डॉ. संदीप रेवाजी राठोड हानच्या अध्यक्षतेखाला काल नवी दिल्लीत दोन उचा पाव्ड्या वयल्यो समन्वय बसका जाल्यो . जबाबदार वर्तनाक उर्बा दिवप, अमली पदार्थांच्या गैरवापरा आड जनजागृती करप आनी अमली पदार्थमुक्त भारता खातीर एकवटीत वचनबद्धता अधिक घटमूठ करप ही ह्या प्रतिज्ञेची मोख आसा.

50. (NCPCR)

राष्ट्रीय बाल हक्क संरक्षण आयोगान (NCPCR) आपल्या अखिल भारतीय बचाव आणि पुनर्वसन मोहिमे खाला बालमजुरीतल्यान ३८०० परस अधिक भूर्ग्यांची सुटका केल्या. या मोहिमे वेळार ५७५ परस अधिक एफ आय आर ची लेगीत नोंदि केल्यात .. ही मोहीम १२ जून ते ३१ ऑगस्ट मेरेन सुरू आसली, अशी म्हायती बायला आनी भूरगी विकास मंत्रालयान दिल्या.

70 नेपाळतल्या हुवारांत

नेपाळतल्या हुवारांत बेपत्ता झाल्या भारतीयांच्या प्रथम श्रेणीतल्या जैविक नात्यातल्या लोकांचा डीएनए प्रोफाइलिंग खातीर घर मंत्रालय केंद्रीय आणि राज्य न्यायवैद्यक विज्ञान प्रयोगशाळा, तश्येच राष्ट्रीय न्यायवैद्यक विज्ञान विद्यापीठाच्यो प्रयोगशाळा उपलब्ध करून दितले.. विदेश मंत्रालयान सांगला की, भारतात रावपी साम्बंधीताच्ये नातलग निर्दिष्ट केंद्रांच्येर जैविक नमुने दिव शकतात. नेपाळी अधिकाऱ्यांनी कळईल्या तांत्रिक गरजांच्या अधीन रावोन ,वळख पटोवपाखातीर ऑटोसोमल एस टी आर डीएनए प्रोफाइलिंग केले जाव शकता . हेल्पलाइन क्रमांक +9 77 9841 6160 95. असो आसा.

खेळ

व्हिएतनाम हांगच्या दा नांग हांगा सुरू आशील्या पिकलबॉल विश्वचषक २०२६च्या सांघिक सर्तीच्या उत्तावणा दिसा भारत जैतीवंत रावलो . ही सर्त ह्या महिन्याच्या ६ तारखे मेरेन सुरू आसा . या साखळी फेरयेंत भारतान अँटिग्वा आणि बार्बुडा, इस्रायल आणि झेक प्रजासत्ताक

हानचो पराभव केला. भारतीय व्यावसायिक संघान अँटिग्वा आणि बार्बुडा तश्येच इस्रायल ह्या दोनुय संघांचेर ६-० असो एकतर्फी विजय नोंदयला. त्या उपरांत भारतान झेक प्रजासत्ताकचो ५-१ असो पराभव करून साखळी फेरयेंत अव्वल जागो मेळयला .

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन मध्य प्रदेशाचेर खूप व्हड पावस पडपाचो अदमास आशिल्ल्यान orange alert जारी केला. तशेंच ह्या दिसा हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, अस्तंत उत्तर प्रदेश, बिहार, झारखंड आनी देशाच्या ईशान्य वाठारान व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. जम्मू-काश्मीर, कर्नाटक, राजस्थान, उपहिमालय अस्तंत बंगाल, आनी अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर फाल्यां मेरेन गडगड आनी जोगला पडपाची परिस्थिती चालू उरतली अशें हवामान खात्यान सांगलां. ते भायर आय एम डीन आयज रातीं कडेन दिल्लींतल्या कांय सुवातींनी गडगड आनी जोगला पडपा वांगडाच हलको पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.